०९-०६-२०२५

सकाळी - ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

- काँग्रेसचे खासदार शशी थरूर हांच्या फुडारपणाखाला सगळ्या पक्षाच्या शिश्टमंडळान अमेरीकेचो दौरो पूराय केलो.

- सिक्कीमातल्या भूंयकाप जाल्ल्या वाठारांतल्यान 28 जणांक आनी 20 लश्करी जवानांक सुरक्षितपणान काडले भायर.

- संरक्षण संशोधन आनी विकास संघटनेच्या वाहन संशोधन आनी विकास संस्थेन 10 भारतीय उद्देगांक णव संरक्षण प्रणालींचे तंत्रगिन्यान केले हस्तांतरीत.

- अमेरिकेचे राश्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी १२ देशांच्या नागरिकांक अमेरिकेत प्रवेश करपाक बंदी घालपाचो दिल्लो आदेश आयजसावन लागू जाता.

- फ्रेंच ओपन सर्तीत स्पेनच्या कार्लोस अल्काराझान काल राती जाल्ल्या रोमांचक निमण्या खेळात ह्या सर्तीचे वस्तादपण जोडले.

संसदीय शिष्टमंडळ - १५०

पाकिस्तान पुरस्कृत आतंकवादाआड झूंजपाचो भारताचो निर्धार मांडपा खातीर अमेरीकेचे उपराश्ट्राध्यक्ष जे.डी. वेंन्स आनी उपविदेश मंत्री क्रिस्टोफर लँडौ हांची

सगळ्यापक्षाच्या संसदीय शिष्टमंडळान भेट घेतली. ह्या शिष्टमंडळाचो अमेरिकेचो दौरो काल सोपलो. भोवराष्ट्रीय दौऱ्याच्या निमण्या पावंड्यात, काँग्रेसचे खासदार शशी थरूर हांच्या फुडारपणाखालच्या शिष्टमंडळान २२ एप्रिलात जाल्ल्या पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याच्या फाटभूंयेर भारतान सुरू केल्ल्या ऑपरेशन सिंदूरविशी मुखेल खबराकारांक म्हायती दिली. आंतरराष्ट्रीय समुदायामेरेन पावपाखातीर आनी आतंकवादावांगडा पाकिस्तानचे आशिल्ले संबंध उजवाडपाखातीर भारतान ३३ देशांच्या राजधानींक भेट दिवपाखातीर सात भोवपक्षीय शिष्टमंडळांकडेन जापसालदारकी दिल्ली. हे शिष्टमंडळ ३ जूनाक अमेरिकेच्या राजधानीत आयिले आनी तीन दिसांत कॅपिटल हिल तशेच वॉशिंग्टनात खूपश्यो बसका घेतल्यो. ह्या बसकांनी शीमपलतडच्या आतंकवादाविशी भारताच्या भूमिका हे विशी शिष्टमंडळान अमेरिकेचे सरकारी अधिकारी तशेच कायदेकर्त्यांक म्हायती दिली. उपराश्ट्राध्यक्ष वेंन्स आनी लँडौ हांचे व्यतिरिक्त, भारतीय शिष्टमंडळान हाऊस फॉरेन अफेयर्स कमिटीचे मुखेली, इंडिया कॉकसचे मुखेली आनी सिनेट फॉरेन रिलेशन्स कमिटीच्या फुडा-यांचीय भेट घेतली. २४ मेक भारतातल्यान न्यू यॉर्काक पाविल्ल्या ह्या शिष्टमंडळान दौऱ्याच्या निमण्या पावंड्यात वॉशिंग्टनांत पावचे पयलीं गयाना, पनामा, कोलंबिया आनी ब्राझीलाकूंय भेट दिल्ली.

सिक्किम भूंयकाप - ९०

उत्तर सिक्किमांतल्या चाटेनांत व्हड पावसाक लागून जाल्ल्या भूंयकांपाक लागून तशेच रस्त्यांची जोडणी तूटील्ल्यान आडकून पडील्ल्या 28 जाणांक आनी 20 लश्करी जवानांक काल विमानांतल्यान सुरक्षितपणान स्तलांतरीत केले. पयल्या उड्डाणात एका हेलिकॉप्टरान चाटेनातल्यान २८ नागरिकांक व्हेले, ज्यातूंत सान भूरगी, पर्यटक, टॅक्सी चालक आनी सरकारी अधिकारी हांचो आस्पाव आशिल्लो. तर दुसऱ्या उड्डाणात २० लष्करी जवानांक पाकयोंग ग्रीनफील्ड विमानतळार सुरक्षित व्हेले. एमआय-१७ हेलिकॉप्टरान चाटनात तैनात आशिल्ल्या लष्करी जवानाखतीर गरजेची साहित्य पूरवण केली. सिक्कीम सरकाराने भूंयकापाकलागून प्रभावित जाल्ल्या लोकांक तात्काळ मजत आनी सुरक्षितपणान

भायर काडपाखातीर हेलिकॉप्टरची व्यवस्था केली.हालींच्या काळांतल्या प्रतिकूल परिस्थितीक लागून रस्त्यांची जोडणी आनी वाठारांत प्रवेशांत आडमेळीं आयिल्लीं.

रविशंकर प्रसाद शिष्टमंडळ - ५०

भाजपाचे खासदार रविशंकर प्रसाद हांच्या फुडारपणाखालच्या सगळ्यापक्षांचे शिष्टमंडळ जर्मनीचा दौरो यशस्वीपणान पूराय केल्याउपरांत काल दिल्लीत पावले. आतंकवादाआडच्या शून्य सहिष्णुतेचो भारताचो खर संदेश ह्या शिष्टमंडळान मुखार व्हेलो. आपल्या शिष्टमंडळान फ्रान्स, इटली, डेन्मार्क, इंग्लंड, ब्रुसेल्स आनी जर्मनीचो दौरो केलो आनी विदेशी राष्ट्रांनी पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचो निषेध केलो अशें खबराकारांकडेन उलयताना भाजपाचे खासदार रविशंकर प्रसाद हांणी सांगले.

DRDO - ९०

महाराष्ट्रातील अहमदनगरातल्या, DRDO म्हळ्यार संरक्षण संशोधन आनी विकास संघटनेच्या वाहन संशोधन आनी विकास संस्थेन 10 भारतीय उद्देगांक णव संरक्षण प्रणालींचे तंत्रगिज्ञान हस्तांतरीत केले. ह्या प्रणालींत रासायनिक, जैविक, रेडिओलॉजिकल, न्यूक्लियर (CBRN) रिकॉनिसन्स वाहन, माउंटेड गन प्रणाली, आतंकवादाआडची वाहना आनी वज्र-दंगल नियंत्रण वाहन हांचो आस्पाव आसा. तंत्रगिज्ञान हस्तांतरण सुवाळ्याक DRDO चे अध्यक्ष डॉ. समीर व्ही. कामत हाजीर आशिल्ले. हे वेळार डॉ. कामत हांणी ऑपरेशन सिंदूर वेळार स्वदेशी प्रणालींच्या अपवादात्मक कामगिरीखातीर DRDO आनी संरक्षण उद्देगांची तोखणाय केली. संरक्षण संशोधन आनी विकास संघटनेच्या (DRDO) वाहन संशोधन आनी विकास आस्थापनेन उदेन्मुख तंत्रगिज्ञानात सहकार्य करपाखातीर पुण्यातल्या COEP तंत्रगिज्ञान विद्यापीठावांगडा एक समजीकायेची कबलात केली.

कोविंद - १४०

आदले राष्ट्रपती रामनाथ कोविंद हांणी हरियाणाचे राज्यपाल बंडारू दत्तात्रेय हांची तोखणाय करताना, भौशिक जीणेत तांचे कोणूंच शत्रू नात आनी प्रतिस्पर्धी नात अशें म्हळा. तेलुगू भाषेत बरयल्ले दत्तात्रेय हांचे आत्मचरित्र 'प्रजाला काथे, ना आत्म कथा' प्रकाशित केल्याउपरांत रामनाथ कोविंद उलयताले. दत्तात्रेय सगळ्यांकडेन इश्टागत भावनेन वावूरता, अशेंय तांणी सांगले. आदले उपराष्ट्रपती एम. वेंकय्या नायडू, आंध्र प्रदेशचे मुखेलमंत्री एन. चंद्राबाबू नायडू, तेलंगणाचे मुखेलमंत्री ए. रेवंत रेड्डी, वेगवेगळ्या राज्यांचे राज्यपाल आनी केंद्रीय मंत्री जी. किशन रेड्डी हांच्यासयत वेगवेगळ्या राजकी पक्षांचे फुडारी हेवेळार हाजीर आशिल्ले. गरिबांचे उत्थान आनी गरजेवंतांक मजत करपाखातीर दत्तात्रेय हांच्या अथक यत्नांची तोखणाय लेगित हेवेळार कोविंद हांणी केली. आणीबाणीच्या काळात तांच्या बंदखचो उघडास लेगित तांणीहेवेळार काडलो. दत्तात्रेय हांचे जीण सदाच लोकांकडेन जोडला आनी राजकी विचारांकडेन लेगित तांची बांधिलकी तितलीच म्हत्त्वाची आसा अशें वेंकय्या नायडू हांणी म्हळे. चंद्राबाबू नायडू हांणी तांचे वर्णन 'सज्जन राजकारणी' अशें केला आनी १९७७ च्या चक्रीवादळात तांणी केल्ल्या सेवेचीय तोखणाय तांणी केली.

ट्रम्प - ८०

अमेरिकेचे राश्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी १२ देशांच्या नागरिकांक अमेरिकेत प्रवेश करपाक बंदी घालपाचो दिल्लो आदेश आयजसावन लागू जाता. ही बंदी अफगाणिस्तान, म्यानमार, चाड, कॉंगो प्रजासत्ताक, इक्वेटोरियल गिनी, एरिट्रिया, हैती, इराण, लिबिया, सोमालिया, सुदान आनी येमेनचेर लागू जातली. बुरुंडी, क्युबा, लाओस, सिएरा लिओन, टोगो, तुर्कमेनिस्तान आनी व्हेनेझुएला ह्यासयत हेर सात देशांतल्या लोकांच्या प्रवेशाचेर कांय प्रमाणांत बंदी आसतली. ट्रम्प प्रशासनान आतंकवाद, वळख पडताळणीतलो इबाड, व्हिसाचो काळ वाडोवप आनी फावो त्या प्रमाणांत गुन्यांवकारी नोंदी नाशिल्ल्यान बंदी घालपाचें कारण हे कारण आसा अशें म्हळा. कार्यकारी आदेशाप्रमाणेच हो आदेश राष्ट्रपतींच्या घोषणेवरवी जारी केल्या.

**INDIA NORWAY - MARINE CONFERENCE - 105**

केंद्रीय पृथ्वी विज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी काल रातीं मोनाकोंत नॉर्वेचो आंतरराष्ट्रीय उदरगत मंत्री असमुंड ग्रोव्हर ऑक्रस्ट हांची भेट घेतली. हे बसकेंत नॉर्वेच्या मंत्र्यान जम्मू-काश्मीरांतल्या पहलगामांत हालींच जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या विशीं भारताबरोबरची एकजुटताय उक्तायली. ते भायर दर्या नियोजन, आर्क्टिक संशोधन आनी लवचिक नील अर्थव्यवस्थे विशीं भारत-नॉर्वे सहकार्य खोलायेन वाडोवपा विशीं दोनूय फुडाऱ्यांनी मुखेल विचारांचो आदान-प्रदान केलो.

**Yoga – 95**

आंतरराष्ट्रीय योग दीस उत्सवाच्या निमतान अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्था योग समावेश ह्या विशयाचेर तीन दिसांची खाशेली अयंगर योग कार्यशाळा घडोवन हाडपाची आसा. ही कार्यशाळा भारतीय वेळा प्रमाण बुधवार मेरेन दर दिसा दनपारां **2** ते **3** मेरेन चलतली. लाईफयोगा सेंटरचे प्रसिद्ध अय्यंगार योग शिक्षक अमित शर्मा हांच्या फुडारपणा खाला ह्या सत्रांनी सटीक शरीर मुद्रा तंत्र आनी मानसिक भलायकी सुधारपाचेर ध्यान केंद्रित करतले.

**IMD - 100**

आयज हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, पंजाब, राजस्थान आनी उत्तर प्रदेशांतल्या काय सुवातींनी उष्णतेची ल्हार येवपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला आसा. हरियाणा, दिल्ली आनी चंडीगढात काय सुवातेर रातच्या वेळार हवामान उश्ण उरूंक शकता अशें हवामान खात्यान सांगलां. दिल्ली, हरियाणा, पंजाब, अस्तंत राजस्थान आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात काय सुवातेर धुल्लाचे वारें मारपाचो अदमास खात्यान उक्तायला. दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश आनी उत्तर अंतर्गत कर्नाटकात काय सुवातेर पावस पडपाची शक्यताय

हवामान खात्यान उक्तायल्या.
नागालँड, मणिपूर, मिजोरम, त्रिपुरा, ओडिशा, पंजाब, अस्तंत मध्य प्रदेश, अस्तंत राजस्थान, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश आनी भितरल्या कर्नाटकांतल्या वाठारांनी विजेच्या कडकडाटासंयत वादळी वारें मारपाची शक्यताय हवमान खात्यान उक्तायला.

टेनिस - ७०

फ्रेंच ओपन सर्तीत स्पेनच्या कार्लोस अल्काराझान काल राती जाल्ल्या  पाच सेटच्या रोमांचक खेळात इटलीच्या संवसारीक वस्ताद यानिक सिन्नर हाका हारोवन फ्रेंच ओपन सर्तीचे वस्तादपण मेळयले. निमण्या खेळात दोन सेटान फाटी पडल्याउपरांतूय अल्काराझचो संघर्ष जारी आशिल्लो. पूण अल्काराझान ह्या खेळात ४-६, ६-७, ६-४, ७-६, ७-६ अशें जैत मेळयले. हे ताचे दुसरे फ्रेंच ओपन वस्तादपण थारले तशेच पाच मुखेल सर्तींनी निमण्या खेळांनी जैत मेळोवपी ताचे पाचवे ग्रँड स्लॅम वस्तादपण थारले.